**वळखपत्र नाशिल्लें नागरिक आनी नेपाळी नागरिकांखातीर फोंडे, मडगांव आनी वास्को हांगा लसीकरण सत्र**

ता. 4 ऑगस्ट 2021

भलायकी सेवा संचालनालयान दक्षीण गोंयांत फोंडे, मडगांव आनी वास्को हांगा सूचीत वळखपत्र नाशिल्लें भारतीय नागरिक आनी नेपाळी नागरिकांखातीर ता. 7 ऑगस्ट 2021 दिसा खास कोवीड लसीकरण सत्राचे आयोजन केला. नगरपालिका हॉल, फोंडे, टीबी हॉस्पिटल, मोती डोंगर, मडगांव आनी सरकारी मुळावीं शाळा, वास्को-द-गामा हांगा सकाळी 9.00 ते सांजेची 5.00 मेरेन लसीकरण सत्र जातले.

फोंड्या मामलेदार श्री. राजेश साखळकर (9822181954), भलायकी अधिकारी डॉ. स्मिता पार्सेकर, उपजिल्हाधिकारी श्री. प्रदीप नाईक, मडगांवां साश्टीचे मामलेदार श्री. प्रतापराव गांवकार (9764627999), उपजिल्हाधिकारी ज्योती कुमारी, वास्को मुरगांवचे मामलेदार श्री. धिरेन बाणावलीकार (7745077746), भलायकी अधिकारी डॉ. रश्मी खांडेपारकर, उपजिल्हाधिकारी श्री. दत्तराज गावस, दक्षीण गोंय कोवीड लसीकरण नोडल अधिकारी डॉ. आयरा आल्मेदा हांच्या देखरेखीखाला लसीकरण सत्रां जातली.

फोंडे, साश्ट आनी मुरगांव म्हालात रावपी नेपाळी नागरिक आनी वळखपत्र नाशिल्ल्या भारतीय नागरिकांनी संबंदीत लसीकरण केंद्राचेर भेट दिवन वासीन घेवचे.

म्हा /सप/ ऑप / विगां/ 2021/643

-

-

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji